फोंडेच्या क्राती मैदानाचेर प्रजासत्ताक दीस मनयलो

ता. 26 जानेवारी 2026

देशाच्या विकासा खातीर लोकप्रतिनिधी, प्रशासन आनी नागरिकांनी एकवटान प्रयत्न करपाचे, तशेंच खास करून गोंयच्या युवकांनी गोंय राज्याच्या सर्वांगी उदरगती खातीर योगदान दिवन गोंयाक आदर्श राज्य करपाक हातभार लावपाचो उलो,
उदकास्त्रोत मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर हांणी फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर आयोजीत प्रजासत्ताक दीस सुवाव्यात उलयतना मारलो.

श्री सुभाष शिरोडकर हांणी सुरवातीक क्रांती मैदानावयल्या शहीद स्मारकाचेर पुष्पचक्र दवरून स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांक आर्गां ओपली. उपरांत राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली आनी संचलनाची पळोवणी केली.

फुडें उलयतना श्री शिरोडकर हांणी भुरग्यांमदी देशभक्तीची भावना रूजोवपाची गरज उक्तायली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारत देश आत्मनिर्भरते कडेन वाटचाल करता, अशें सांगून देशान शिक्षण, शेती, उद्देग, तंत्रज्ञान, अंतराळ संशोधन आनी हेर मळार केल्ल्या प्रगतीचेर उजवाड घातलो. तशेंच तांणी गोंय राज्याक स्वयंपूर्ण करपा खातीर गोंय सरकारान अनेक उपक्रम सुरू केल्ल्याचे सांगलें. गोंयचो सांस्कृतीक वारसो, सैमीक संसाधनां आनी पर्यटन क्षेत्र राज्याच्या विकासा खातीर म्हत्वाचे आशिल्ल्याचें सांगून तांणी गोंयचे सांस्कृतीक दायज आनी सैम सांबाळून दवरपाची गरज उक्तायली.

सुवाव्याक फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री. वीरेंद्र ढवळीकर, स्वातंत्र्य सैनिक, आदले खासदार श्री. नरेंद्र सावईकर, आदले आमदार मोहन आमशेकर, संचालक श्री. रमेश नाईक, रजिस्ट्रार श्री. आशुतोष आपटे, नगरसेवक, जिल्हा पंचायत सदस्य, उपजिल्हाधिकारी श्री. कौशिक, मामलेदार, उपअधीक्षक श्री. एस. वांयगणकर, पीआय श्री. व्ही. कवळेकर, अधिकारी आनी नागरिक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/68

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.